# शाळांनी मासिक पाळयेच्या नितळसाणीच्यो सुविधा उपलब्ध करपाचो सर्वोच्च न्यायालयाचो आदेश

ता. 16 मार्च 2026

शिक्षणीक संस्थांनी आपल्या शाळांनी मासिक पाळयेच्या नितळसाणीच्यो सुविधा उपलब्ध करपाचो आदेश सर्वोच्च न्यायालयान दिला, अशी म्हायती शिक्षण संचालनालयान दिल्या.

सर्वोच्च न्यायालयान आपल्या आदेशात म्हणला, प्रत्येक शाळेत वापरपायोग्य उदकाची सोय आशिल्ली चालू स्थितीत, चले आनी चलयां खातीर वेगळी शौचालयां आसपाक जाय. शाळेतल्या शौचालयांनी हात धुवची सुविधा, साबण आनी उदक सदाच आसपाक जाय. तशेंच प्रत्येक शाळेन ASTM D-6954 मानकांप्रमाण तयार केल्ले ऑक्सो-बायोडिग्रेडेबल सॅनिटरी नॅपकिन्स फुकट उपलब्ध करपाक जाय. असले सॅनिटरी नॅपकिन्स चलयां खातीर चड करून शौचालयाच्या जागेत सॅनिटरी नॅपकिन व्हेंडिंग मशीन वरवीं वा जंय सॅनिटरी नॅपकिन व्हेंडिंग मशीन बेगीन बसोवप शक्य ना थंय थारावीक जागेर वा शाळेत नियुक्त अधिकाऱ्यां वरवीं सोपेपणी उपलब्ध करून दिवचे.

त्याच प्रमाण प्रत्येक शाळेन मासिक पाळी नितळसाण वेवस्थापन (MHM) कॉर्नर (कुड) स्थापन करपाक जाय. अशा कॉर्नरात मासिक पाळये संबंदीत गरजो पूर्ण करपा खातीर अतिरिक्त भितरले कपडे, अतिरिक्त गणवेश, डिस्पोजेबल बॅग आनी हेर आवश्यक साहित्य आसपाक जाय आनी प्रत्येक शौचालय जागेत नितळसाण संबंदीत साहित्य एकठाय करपा खातीर धापिल्ली कोयरापेटी आसपाक जाय आनी अशा डब्यांची नितळसाण आनी देखभाल नेमान करपाक जाय. विद्यार्थ्यांची भलायकी आनी नितळसाणी खातीर राज्यातल्या सगळ्या शाळा वेवस्थापनांनी सर्वोच्च न्यायालयाच्या निर्देशांचे पालन करचे, शिक्षण संचालनालयान मागला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/180

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.